Pm 170

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी थळाव्या उत्पादनांक प्रोत्साहनणदिवपाक 'थळाव्यांखातीर आवाज' अशे आवाहन केले. ताणी म्हणले की, भारतात तयार केल्यो अधिकाधिक वस्तू खरेदी करपाक जाय आणि हेरांकुय तशे करपाक प्रोत्साहित करपाक जाय. त्यांनी थळावे ते जागतिक दर्जाचे करपाची गरज अधोरेखित केली. नवी दिल्लीत नवकार महामंत्र दिसानिमित्त आयोजित सभेत ते उलयताले. नवकार महामंत्राचे तत्वज्ञान विकसित भारताच्या दृष्टिकोनाकडे जोडलेले आसा हे अधोरेखित करून त्यांनी लोकांक णव संकल्प करपाचे आवाहन केले. - उदक वाचोवपाचो संकल्प, आवयच्या नावान एक झाड लावप, स्वच्छतेचे ध्येय, थळाव्या घरगुती पर्यटनाखातीर आवाज, नैसर्गिक शेतीचो अवलंब, निरोगी जीवनशैली आपणावप , योग आणि खेळ जीणेत हाडप आणि शेवटी गरिबांक मदत करपाचो संकल्प. प्रधानमंत्रयान भारताच्या इतिहासात, ओळखीत आणि आध्यात्मिक प्रवासात जैन धर्माचे महत्त्व अधोरेखित केले, जैन साहित्य हे भारताच्या बौद्धिक वैभवाचो कणो आसा हे लक्षात घेवचे अशे ताणी म्हळे. प्राकृत आणि पाली भाषेक दिल्लो शास्त्रीय भाषेचो दर्जो ज्ञानाचे जतन करपाचे सरकाराचे कर्तव्य आशिल्याचे त्यांनी अधोरेखित केले. त्यांनी हवामान बदलाच्या संकटा आड शिटकावणी दिली आणि सांगले की जैन समुदायान शतकानुशतका पाळत आयीली शाश्वत जीवनशैली होच त्याचो उपाय आसा. हे भारताच्या मिशन लाईफकडे पूरायपणान सुसंगत आसा अशे त्यांनी सांगले.

Sitharaman 160

केंद्रीय अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण हाणी म्हणला की, भारत परदेशी बँकांखातीर एक आकर्षक विकास संधी प्रदान करता आणि सरकार बँकिंग क्षेत्रात परदेशी गुंतवणुकीक सक्रियपणान प्रोत्साहन दिता लंडनात जाल्या भारत-यूके गुंतवणूकदार गोलमेज चर्चेत उलयताना, केंद्रीय मंत्र्यांनी नवीन भारताक आकार दिवपी धोरणात्मक फाटबळा सयत शाश्वत आर्थिक वाढ आणि गुंतवणूक संधी सक्षम करपाक सरकारच्या प्राधान्यांची रूपरेषा मांडली. व्यवसाय आणि गुंतवणुकी खातीर अनुकूल वातावरण तयार करपाक अनुपालन वझे कमी करपाक आणि नियमन

सुलभ करपाक सरकार प्रक्रिया आणि प्रशासन सुधारणा करुंक करीत आशिल्या प्रयत्नांविशी ती उलयली.

केंद्रीय अर्थमंत्र्यांनी सांगले की, भारत २०३२ मेरेन सव्या क्रमांकाचो विमा बाजार जातलो २०२४-२०२८ मेरेन ७.१ टक्के सीएजीआरन अपेक्षित वाढ जातली जी २० देशांमदी सगळ्यात वेगान वाढपी विमा बाजारपेठांपैकी एक आसा सीतारमण हाणी माहिती दिली की भारताचे बाजार भांडवली करण ४.६ ट्रिलियन डॉलर्स आसा आणि सध्या जागतिक स्तरार चौथ्या क्रमांकार आसा. २०२२-२३ त जीडीपीच्या ११.७४ टक्के वाटौ आशिल्या भारताच्या डिजिटल अर्थव्यवस्थेक त्याच्या आर्थिक वाढीत महत्त्वपूर्ण योगदान दिवपी म्हणून अधोरेखित करून, अर्थमंत्र्यांनी सहभागींक माहिती दिली की देशांतर्गत वाढील्या युनिकॉर्नाच्या संख्येच्या बाबतीत भारत जागतिक स्तरार तिसऱ्या क्रमांकार आसा.

Railway 100

आंध्र प्रदेश आनी तमिळनाडूंतल्या तिरुपति-पकला-काटपाडी रेल्वे मार्ग विभागाच्या दुहेरीकरणांक मान्यताय दिल्या. मंत्रीमंडळ बसकेंत घेतिल्ल्या निर्णयां विशीं आयज नवी दिल्लींत प्रसार माध्यमांक म्हायती दितना म्हायती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी सांगलें की , ह्या प्रकल्पाक लागून वेल्लोर आनी तिरुपतिच्या शिक्षणीक आनी वैजकी केंद्रां कडेन जोडणी वाडटली. तांणी सांगलें की , आंध्र प्रदेशांतल्या चित्तूर आनी तिरुपति जिल्हयांक आनी तमिळनाडूच्या वेल्लोर जिल्हयांक ह्या प्रकल्पाचो फायदो जातलो, आनी सुमार एक हजार 332 कोटी रुपया खर्च येतलो. ह्या मल्टी ट्रॅकिंग प्रकल्पाक लागून सुमार 400 गांवांक आनी सुमार 14 लाख लोकसंख्ये कडेन जोडणी वाडटली अशे तणी मुखार सांगले .कोळसो, शेतकी वस्तू, शिमीट आनी हेर खनिजां सारकिल्ल्या वस्तूंची येरादारी करपा खातीर हो एक गरजेचो मार्ग अशें मंत्री vaishnav हांणी सांगलें.

CBDT 45

केंद्रीय प्रत्यक्ष कर मंडळ (CBDT)न अधिसूचित केला शश की प्रत्यक्ष कर विवाद से विश्वास येवजनेअंतर्गत कर थकबाकीची घोषणा सादर करपाची निमणी तारीख या महिन्याच्या अखेरीक आसा. एका राजपत्र अधिसूचनेत, CBDT न म्हणला की घोषित करणारे या महिन्याच्या 30 तारखेक वा त्या आदी नियुक्त प्राधिकरणाकडे त्यांची कर थकबाकी दाखल करूंक शकतात.

शूटिंग 50

आर्जेन्टिनाच्या ब्युएनॉस आयरेसांत जाल्ल्या आयएसएसएफ विश्वचषकांत दादल्यांच्या 25 मीटर रॅपिड फायर पिस्तूल शूटिंग सर्तींत विजयवीर सिद्‍धू भांगरा पदक जिखपी पयलो भारतीय थारलो. बायलांच्या विभागांत सुरुची सिंगान 10 मीटर हवाई पिस्तूल सर्तींत पयलें भांगरा पदक जिखलें. दोटटी भांगरा पदक मेळिलयान भारत चार भांगरा, एक रुप्या आनी एक कांस्य पदकां मेळोवन पदकांच्या कोश्टकांत पयल्या क्रमांकाचेर पावल

हवामान 65

वायव्य भारतांत आयज मेरेन उश्णतायेच्या ल्हारांची परिस्थिती चालू उरतली असो अदमास भारतीय हवामान खात्यान उक्तायला. फुडल्या दोन दिसांत गुजरात आनी मध्य प्रदेशांत उश्णतायेच्या ल्हारांचो परिणाम चड जातलो अशें आयएमडीचे वरिश्ठ शास्त्रज्ञ डॉ. नरेश कुमार हांणी सांगलें. ह्या उश्णतायेच्या ल्हारांचो परिणाम आयज पंजाब, हरियाणा, आनी दिल्लींत चड जातलो अशें तांणी सांगलें. कुमार हांणी फुडें सांगलें की आयच्यान तापमान उणें जातलें. आयएमडीन आयज अस्तंत राजस्थाना खातीरय रेड अलर्ट जारी केला.